१५.१०.२०२६ सकाळी ७.२५

आकाशवाणी पणजी केंद्र, प्रादेशिक खबरा विभाग, प्रादेशिक खबरो दिता

गोंय आनी कर्नाटक हांच्यामदल्या रेल्वे जोडणेक आता आनीक बळगे मेळ्ळा. मडगांव–मंगळुर वंदे भारत एक्सप्रेस बेंगळुर मेरेन वाडोवपाचो निर्णय घेवन, ही गाडी आतां यशवंतपूर मेरेन धांवतली. विस्तारित सेवा रेल्वे गाडी क्रमांक २६६५५ आनी २६६५६, यशवंतपूर–मंगळुर–मडगांव वंदे भारत एक्सप्रेस ह्या नावान धांवतली. ह्या गाडयेच्यो वेळापत्रकांतय बदल जातले. ह्या विस्तारा वरवीं बेंगळुर आनी गोंय हांच्यामदली रेल्वे जोडणी सुदारतली. तशेंच हसन, मंगळुर, उडुपी आनी कारवार ह्या दर्यादेग वाठातल्या म्हत्वाच्या सुवातानी प्रवास करपी प्रवाशांकय फायदो जातलो अशे मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हांणी म्हणला. ह्या सेवेखातीर पर्यटक, व्यापारी, विद्यार्थी आनी भाविकांक बेंगळुर, दर्यादेग वाठारातले कर्नाटक आनी गोंय हांच्यामदी प्रवास करपाक चड सोयीचें जातलें. तशेंच, ह्या रेल्वे सेवेखातीर पर्यटनाक आनी वेपारी संबंधांकय चालना मेळटली.

केंद्रीय भलायकी आनी कुटुंब कल्याण मंत्रालयान गोंयांत २०२७-२८ ह्या शैक्षणीक वर्सा सावन ५० एमबीबीएस सीटां सयत नवें वैजकीम्हाविद्यालय सुरू करपाक मान्यताय दिल्या. एमबीबीएसच्या 50 सुवातांची तजवीज आशिल्लें ईएसआय वैजकी म्हाविद्यालय कुंकळ्ळे हांगा नुसी वॉकहॉर्ड हॉस्पिटलाचे सुवातेर जातलें. वैजकी म्हाविद्यालयातं जे 50 सुवातो आसतल्यो ते पैकीं 25 सुवातो गोंयकारां खातीर राखीव आसतल्यो. हेर 25 सुवातो ईएसआयचे कर्मचारी आनी हेरां खातीर आसतल्यो. पुराय म्हाविद्यालय केंद्रीय निधीतल्यान जातलें, अशी म्हायती मुखेलमंत्र्यानी दिली. केंद्र सरकारान एमबीबीएसच्या 50 सुवातो आशिल्ल्या वैजकी म्हाविद्यालयाक मान्यताय दिल्या. हाका लागून राज्या खातीर एमबीबीएसच्यो सुवातो वाडटल्यो. म्हजे कारकिर्दींत राज्यांत दुसरें म्हाविद्यालय स्थापन जावप ही अभिमानाची गजाल आसा, अशें मुखेलमंत्र्यानी सांगलें. मुखेलमंत्री वैजकी सहायता येवजणेचो लाव एकदा मेळ्ळो काय त्याच मनशाक 3 वर्सा उपरांत दुसरे खेपे लाव मेळटलो. एकल्याकूच 3 वर्सां पयली लाव घेवपाक मेळचो ना. मात कुटुंबांतल्या हेर मनशाक मात लाव मेळप शक्य आसा. हे येवजणेचे ऑनलायन अर्ज उपलब्ध जाल्या. येवजणेची अधिसुचोवणी सरकारान जारी केल्या. गोंयांत 15 वर्सांचो राबितो आशिल्ल्यांक आतां उपचारा खातीर 30 टक्के वा चडांत चड 2 लाख रुपया मेरेन अर्थीक मजत दिवपी मुखेलमंत्री वैजकी सहायता कक्ष येवजणेचो शुभारंभ जाला. गोंयकारांची भलायकी बरी उरची हे खातीर ही

येवजण आसा. गरजेचीं कागदपत्रां सादर केले उपरांत हे येवजणेचो लाव मेळटलो, हे येवजणे खातीर ऑनलायन तशेंच ऑफलायन अर्ज करपाची सुविधा आसा. येवजणेच्या म्हायती खातीर 14524 हो नंबर डायल करचो पडटलो.

गोंय राज्य शिक्षणिक संशोधन आनी प्रशिक्षण मंडळान नॅशनल मिन्स-कम-मेरिट शिश्यवृत्ती फाव जाल्ल्या विद्यार्थ्यां खातीर नॅशनल स्कॉलरशिप पोर्टलार अर्जाचें नुतणीकरण करपाची मुजत वाडोवन दिल्या. केंद्रीय शिक्षण मंत्रालयाच्या NMMSS विभागान ही मुजतवाढ दिल्ली आसा. फाटल्या वर्सा ज्या विद्यार्थ्यांनी NMMS शिश्यवृत्ती खातीर अर्ज केला तातूंतल्या जायत्या विद्यार्थ्यांनी अजूनय चालू वर्सा खातीर अर्जाचें नुतणीकरण करूंक ना, ही गजाल लक्षांत घेवन हे सुधारीत वेळापत्रक जारी केला. विद्यार्थ्यांनी अर्जाचें नुतणीकरण करपाची निमणी तारीख: ३१ आक्टोबर २०२६ आसा.

गोंय पुलीस खात्यावतीन 21 ऑक्टोबराक पुलीस स्मृती दीस पाळटले. पणजे पुलीस मुख्यालयाच्या मैदानाचेर सकाळी 8 वरांचेर ही कार्यावळ जातली. ह्या दिसा राष्ट्र आनी नागरीकांची सेवा करतना आपलो जीव वगडायिल्ल्या पुलीस कर्मचाऱ्यांच्या उगडासाक आर्गां ओपतले. दर वर्सा 21 ऑक्टोबर दिसा राष्ट्र आपल्या मायभूंयेच्या अखंडतायेची राखण करतना जम्मू-काश्मीरातल्या हॉट स्प्रिंग्स वाठारांत मरण आयिल्ल्या धा शूर पुलीस जवानांच्या बलिदानाचो उगडास करता.

भारतीय हवामान खात्याच्या पणजी वेधशाळेन दिल्ल्या अदमासाप्रमाण गोंयांत फुडले सात दिस पावसाची शक्यताय नासून उश्ण आनी दमट हवामान आसतले असो अदमास पणजी वेधशाळेन उक्तायला. फुडल्या 2 दिसांखातीर उश्ण आनी दमट हवामानाचो यॅलो अलर्ट ज्यारी केला. फाल्या आनी परां उत्तर गोंय तशेच कुशावती जिल्यातल्या घाट आनी लागसारच्या वाठारात एकसुरे सुवातानी वादळी वा-यासयत गडगड्पाची शक्यताय आसा.

दादल्यांच्या क्रिकेटांत काल रातीं हैदराबादांत जाल्ल्या चवथ्या टी-20 आंतरराष्ट्रीय खेळांत वेस्ट इंडीजान भारताक 24 धांवड्यांनी हारयले. वेस्ट इंडीजान थारायिल्ल्या 248 धांवड्यांच्या लक्ष्याचो फाटलाव करताना भारतान 19.3 शटकात 9 गडे वगडायत 223 धांवड्यो केल्यो. पांच खेळांच्या ह्या माळेंत आतां 2-2 अशी बरोबरी जाल्या.